आकाशवाणी पणजीच्या

प्रादेशिक विभाग

**29.01.2025** **6.30 pm**

**खेळ 95**

उत्तराखंडाची राजधानी देहरादूनांत काल सांजवेळार प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी 38व्या राष्ट्रीय खेळां सर्तींचें उक्तावण केलें. ह्या काय्यक्रमाची खाशेली गजाल म्हळ्यार राश्ट्रीय खेळां सर्तींची मशाल तेजस्विनी सुपूर्द करप आनी तातूंतल्यान 13 जिल्ह्यांतल्यान 4 हजार किलोमीटरांचो प्रेरणादायक प्रवास पुराय जालो. ऑलिंपियन लक्ष्य सेन हांणी प्रधानमंत्री मोदीक ही मशाल भेटयली. देवभूमी उत्तराखंडांत राष्ट्रीय खेळां सर्तींचें आयोजन केल्याबद्दल प्रधानमंत्र्यान अभिमान उक्तायलो आनी राज्या खातीर हो इतिहासीक आनी दिव्य खीण अशें सांगले. भारताच्या उदरगतीच्या काणयेंत खेळाचें म्हत्व रेखांकित करतना भारत खेळाक आपल्या उदरगत प्रवासांतलो एक अविभाज्य भाग मानता देश तिसरी  व्हड अर्थीक शक्त जावपाचे दिकेन सातत्याने वाटचाल करता अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी म्हणलें.

**महाकुंभ 65**

प्रयागराज महाकुंभांत जाल्लो अपघात खूब दुख्खाचो आसा अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत मोदीन ह्या अपघातांत आपल्या प्रियजनांक वगडायल्या  भाविकांखातीर दुख्ख उक्तायलां. जखमी लोकांक बेगीन बरे जावचे म्हूण ताणी प्रार्थना केली. थळावें प्रशासन बळी पडिल्ल्या  लोकांक शक्य तितली मजत दिता अशें मोदी हांणी सांगलें. मुख्यमंत्री योगी आदित्यनाथ हांचे कडेन उलयलां आनी राज्य सरकारा कडेन सतत संपर्कांत आसात अशें प्रधानमंत्री हांणी सांगलें.

**Shah 65**

महाकुंभ मेळ्यात जाल्ल्या दुर्दैवी अपघाताबद्दल केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहा हांणी खर दुख्ख उक्तायलां. सोशल मिडिया पोस्टांत शाहान हांणी ह्या अपघातांत आपल्या लागीच्या मनशांक गमायिल्ल्या लोकां खातीर दुख्ख उक्तायलां. जखमींचेर प्रशासन हॉस्पिटलांत उपचार करतात अशें तांणी सांगलें. उत्तर प्रदेशाचे मुख्यमंत्री आनी थळाव्या प्रशासना कडेन आपूण सतत संपर्कांत आसा अशें गृहमंत्री हांणी सांगलें.

राष्ट्रपती द्रोपदी मुर्मू  हाणीय ह्या दुर्घटनेविशी दुःख परगटावन जखमी बेगीन बरे जावचे म्हण प्रार्थना केल्या

**सुओ मोटू 70**

सुओ मोटू आरजी कार प्रकरणाची आयज सर्वोच्च न्यायालयांत सुनावणी जाली. फाटल्या वर्सा ऑगस्टांत कोलकाताच्या आरजी कार हॉस्पिटलांत प्रशिक्षणार्थी दोतोराचेर

क्रूरपणान जाल्ल्या बलात्कार आनी खून। उपरांत सुरू जाल्ली ही केस वैजकी वेवसायिकांचे सुरक्षे विशीं आसा. 22 जानेवारीक भारतीय मुखेल न्यायाधीश संजीव खन्ना, न्यायाधीश संजय कुमार आनी न्यायाधीश के व्ही विश्वनाथन हांच्या खंडपिठान वेळेचो उणाव आसा आनी ह्या प्रकरणांत तीन नवे अर्ज दाखल जाल्यात, देखून खटलो 29 जानेवारीक चालू उरतलो अशें सांगिल्लें.

**वैष्णव 95**

सरकारान 34 हजार कोटी परस चड खर्चाच्या राष्ट्रीय क्रिटिकल मिनरल मिशनाक मान्यताय दिल्या. हरित तंत्रज्ञानाक प्रोत्साहन दिवपाक गरजेची मुखेल खनिज संसाधनां खातीर एक लवचीक मोल साखळी तयार करपाचो निर्णय घेतला. आयज नवी दिल्लींत प्रसार माध्यमांक संबोधीत करतना म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी अर्थवेवस्थेच्या उदरगती खातीर मुखेल खनिजांचें म्हत्व उक्तायलें. उर्जा संक्रमण, शेती, संरक्षण, इलॅक्ट्रॉनिक्स, दूरसंचार, येरादारी, अंतरिक्ष, अणुकेंद्रीय आनी हेर क्षेत्रां खातीर मुखेल खनिज तंत्रगिन्यानाची गरज आसा अशें तांणी सांगलें. म्हत्वाच्या खनिजांचो सोद घेवपाची देशाची तांक वाडोवप, म्हत्वाचे खनिज ब्लॉक मेळोवप आनी खनिज आयातीचेर आदारून रावप उणें करपाच्या हेतान ह्या मिशनाक मान्यताय दिल्या अशें तांणी सांगलें.

**वक्फ 145**

वक्फ (दुरुस्ती) विधेयक, 2024 विशीं संसदेचे संयुक्त समितीन आयज आपलो अहवाल मसुदो मान्य केलो. नवी दिल्लींत प्रसार माध्यमां कडेन उलयतना 31 वांगड्यांची समितीचे अध्यक्ष जगदंबिका पाल हांणी विधेयक संबंदीत 14 कलमांत दुरुस्ती समितीन मान्य केल्या अशें सांगलें. समितीचो अहवाल फाल्यां लोकसभेचे अध्यक्ष ओम बिर्ला कडेन सादर करतले अशें तांणी सांगलें. फाटल्या स म्हयन्यांत ह्या विधेयकाचेर सविस्तर चर्चा जाल्या अशें पाल हांणी स्पश्ट केलें. वक्फ (दुरुस्ती) विधेयक, 2024 चे उद्दिष्ट नोंदीचें डिजिटायझेशन, कडक ऑडिट, वाडिल्ली पारदर्शकता, आनी बेकायदेशीर रितीन व्याप्त वक्फ मालमत्ता परत मेळोवपा खातीर कायदेशीर यंत्रणा सयत म्हत्वाची सुदारणा हाडपाचो हेतू आसा. देशभरांतल्या वक्फ मालमत्तेचें वेवस्थापन आनी नियंत्रण सुदारपाचो हे विधेयक आसा.मजगतीं, पॅनलाच्या विरोधी वांगड्यांनी अहवालाक मान्यताय दिवपाचेर प्रस्नचिन्न उबें केलें. द्रमुक खासदार ए राजा म्हणले की, हा अहवाल घाईघाईन स्वीकारला. काँग्रेसचे नसीर हुसेन म्हराजान हो अहवाल उतावळपणान मान्य केलो अशें सांगलें. काँग्रेसीचे नासिर हुसेन सांगलां की, आपल्यो जायत्यो हरकती आनी सुचोवण्यो अहवालांत आस्पावना.

**हवामान 80**

भारतीय हवामान खात्यान उत्तराखंड, पंजाब, हरियाणा, चंडीगढ, उपहिमालयन अस्तंत बंगाल आनी सिक्किम हांगा अदमास दाट धुक्याची परिस्थिती उरपाचो अदमास काडला. उत्तर प्रदेश, गंगीय अस्तंत बंगाल, दर्यादेग ओडिशा आनी बिहाराच्या कांय वाठारांनी फुडले 2-3 दीस अशीच परिस्थिती उरपाची शक्यताय आसा. भारतीय हवामान खात्यान दिल्ले म्हायती प्रमाण फुडले दोन दीस अरुणाचल प्रदेश, आसाम आनी मेघालयांत गडगडपा वांगडाच हलका ते मध्यम पावस पडपाची शक्यताय आसा. तशेंच फुडल्या चार दिसांत वायव्य, मध्य आनी उदेंत भारतांत तापमानांत 2-4 अंश सेल्सियस वाड जावपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या.

आणि ईतल्यान ह्यो राष्ट्रीय खबरा सोपल्यो . आमचे मुखवले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकूंक मेळटलें फाल्या सकाळी ८ वरा ४० मिनिटांचेर. नमस्कार